**Aakashvani PANAJI National Bulletin 8.40 am 7th December 2025**

Prez

राष्ट्रपती मुर्मू हांणी भारत-रशिया विशेष आणि विशेषाधिकार प्राप्त धोरणात्मक भागीदारी खातीर राष्ट्रपती पुतिनांच्या तेक्याचे आणि वैयक्तिक वचनबद्धतेचे कौतुक केले. राष्ट्रपतींनी नमूद केले की ही भागीदारी शांतता, स्थिरता आणि परस्पर सामाजिक-आर्थिक आणि तांत्रिक प्रगती खातीर सामायिक वचनबद्धते खातीर निर्देशित आसा.

---------------------------------------------------

Russia

भारत आणि रशियान २०३० मेरेन द्विपक्षीय व्यापार १०० अब्ज डॉलर्स मेरेन वाडोवपाचे वचन दिले. काल नवी दिल्लीत रशियाचे rashtraध्यक्ष व्लादिमीर पुतिन हांचे वांगडा भारत-रशिया व्यवसाय मंचात  उल्यताना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांनी नमूद केले की दोनुय फुडार्यांनी हाली केल्यो चर्चा आणि दोन्ही वटांनी मजबूत क्षमता दर्शयतात की द्विपक्षीय व्यापार-लक्ष्य वेळेआदीच साध्य जातले. व्यवसाया खातीर सरलीकृत आणि अंदाजे यंत्रणा तयार करतात हाचेर त्यांनी भर दिला. भारत आणि युरेशियन आर्थिक संघामदलो मुक्त व्यापार  कबलातीर चर्चा सुरू जाल्या अशेय त्यांनी नमूद केले. भारताच्या कुशळ कामगारा विशी उलयताना प्रधानमंत्री मोदीनी म्हळे **Byte** MODI ON SKILLED

EV उत्पादना विशी भारत आनी रशिये मदल्या वेपार संबंधाचेर तांणी सांगले

---------------------------------------------------

AMIT SHAH

केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह आयज अहमदाबाद नगरपालिकेच्या 1500 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या उदरगतीच्या कामांचें उक्तावण करून बुन्याद घालतले. हे प्रकल्प घरां, मुळावी बांदावळ आनी

भौशीक सोयी हांचे कडेन संबंदीत आसात. दीसभर चलपी कार्यावळींच्या माळेंत मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल हाजीर आसतले.

---------------------------------------------------

**INDIGO**

प्रवाशांचे सगले प्रलंबीत रिफंड कळाव करिनासतना क्लियर करपाचो निर्देश सरकारान इंडिगोक दिला. रद्द केल्ल्या वा खंडीत जाल्ल्या सगळ्या विमानांची परतावो आयज रातच्या 8 वरां मेरेन पुराय करपाची आज्ञा नागरी विमान मंत्रालयान दिल्या. इंडिगोन व्हड प्रमाणांत विमान रद्द केल्ल्यान देशभरांतल्या प्रवाशांक व्यत्यय आनी असुविधा निर्माण जाल्ल्यान हो निर्देश जारी केला.

---------------------------------------------------

PM GDP

सध्या भारत संवसारा खातीर चड वाड आनी उण्या चलनवाडीचें आदर्श म्हणून उबो आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत एका कार्यावळींत उलोवप करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी चालू अर्थीक वर्साच्या दुसऱ्या तिमाहीत जीडीपी वाडपाचो दर 8 टक्क्यांनी देशांतल्या वाडट्या प्रगतीचें प्रतिबिंब आसा अशें उक्तायलें. जागतीक मळार भारताची भुमिके विशीं उलयतना प्रधानमंत्री हांणी , आव्हानां आनी अनिश्चिततायेन त्रास जाल्ल्या संवसारांत राष्ट्र खंबीरपणान उभे आसा अशे म्हणले. लोक आनी सरकारा मदलो विस्वास आतां घट जाला अशें प्रधानमंत्र्यान नदरेक हाडलें. पयलीं ही वेवस्था स्वताच्या लोकां विशीं संशयवादी आशिल्ली पूण आतां नागरिक केंद्रीत पद्दतीन शासन सुगम केला अशें तांणी मुखार सांगलें.

---------------------------------------------------

SIR

मतदार वळेरी पुनरिक्षण नोव्हेबरा सावन गोयात सुरु जाला हे विशी मुखेल वेचणुक अधिकारी संजय गोयल हांचेकडे आमचे प्रतिनिधी उलयले. PACKAGE BYTE

---------------------------------------------------

CLUB FIRE NSD

गोंयांत आयज रातीं उसरां आरपोरा हांगाच्या एका क्लबांत उजो लागल्या उपरांत उण्यांत उणे 25 जाणांक मरण आयलें तातूंत चडशे नाईट क्लबाचे कर्मचारी आनी अरपोरा हांगाचे 4 पर्यटक आशिल्ले. पुलिसांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण दर्यादेगेवेल्या राज्यांतल्या बागा हांगाच्या बर्च बाय रोमियो लेन नांवाच्या क्लबांत मध्यान रातच्या सुमाराक हो उजो लागलो.मध्यान रातीं सुमार सिलिंडर स्फोटाक लागून हो उजो लागला असो दुबाव आसा. 6 जाण जखमी जाल्यात आनी तांचेर उपचार चालू आसात. उजो पालोवपी निविदा घडणुकेच्या सुवातेर व्हेल्यो, आनी सोडवणूक कारवाय सुरू आशिल्ली. डीजीपी सयत वरिश्ठ पुलीस अधिकारी आनी उत्तर गोंय जिल्ह्यांतले पुलीस पंगड घडणुकेच्या सुवातेर आसात . ह्या सुवातेर भेट दिवपी मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, चडशा बळींक घुस्मटमार जाल्ल्यान मरण आयलें, आनी उजो पालोवपाची सुरक्षेची सक्तीचें पालन करिनासतना क्लब काम करतालो. योग्य तपासणी करिनासतना परवानगी क्लियर करपी अधिकाऱ्यां सयत जापसालदारांचेर खर कारवाय करपाची शिटकावणी तांणी दिल्या.उत्तर गोंयांत मरण आयिल्ल्यान राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दुख्ख उक्तायलां. सोशल मिडिया पोस्टांत राष्ट्रपती मुर्मू हांणी आपली दुख्ख उक्तायली आनी ह्या कठीण काळांत दुख्खी कुटुंबांक बळगेंमेळचे अशी आस्त बाळगिल्या. तशेंच जखमी लोकांक बेगीन बरे जावचे म्हूण राष्ट्रपतींनी प्रार्थना केली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी ही घडणूक दुख्खाची आसा अशें म्हणलां. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान जखमी जाल्ले लोक बेगीन बरे जावचे अशीय आस्त उक्तायल्या. तशेंच प्रधानमंत्री गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांचे कडेन हे परिस्थिती विशीं उलयले आनी सांगलें, राज्य सरकार बाधितांक शक्य तितली मजत दिसूची अशे सांगलें . प्रधानमंत्री राष्ट्रीय मजत निधींतल्यान मरण आयिल्ल्या लोकांच्या कुटुंबांक 2 लाख रुपया एक्स ग्रेटिया दितले अशें प्रधानमंत्र्यान जाहीर केलां. जखमींक 50 हजार रुपया दितले अशें प्रधानमंत्री हांणी मुखार सांगलें.

---

RAJNATH SINGH

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग जायत्या मुळाव्या साधनसुविधा आनी जोडणी प्रकल्पांचें उक्तावण करतले, आयज लद्दाखांतल्या लेह जिल्ह्यांतल्या श्योक हांगा मुखेल कार्यावळी जातले जंय रणनितीन म्हत्वाचो श्योक बोगद्याचें उक्तावण करपाची येवजण आसा. रस्ते, पूल, बोगदे आदी सयत प्रकल्पांक लागून फुडें वाठारांनी तशेंच जम्मू-काश्मीर आनी लद्दाखांतल्या पयसुल्ल्या गांवांनी हेर राज्यां भायर जोडणी सुदारतली.

----------------------------------------------------

SAGAR BANDHU

ऑपरेशन सागर बंधू खाला चक्रीवादळाचो परिणाम जाल्ल्या वाठारांत गरजेची जोडणी परतून मेळोवपा खातीर काल बेली ब्रिज युनिट व्हरपी चवथें सी17 विमान, तिसरें विमान श्रीलंकेच्या कोलंबो शारांत पावलें. सोशल मिडियाचेर विदेश वेव्हार  मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी म्हायती दिल्या.

----------------------------------------------------